०९.१०.२०२५ सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो

आयजसावन 12 ऑक्टोबर मेरेन गोयांत जावपी आंतरराष्ट्रीय पर्पल महोत्सवाक 25-30 देशातले सुमार 15 हजार प्रतीनीधी वाटो घेतले अशी म्हायती गोंय दिव्याग सक्षमीकरण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या. दिल्ली आयआयटीच्या जोडपालवान ह्या फेस्टीवला खातीर विशेश ॲप तशेंच हेर तंत्रीक सुविधा उपलब्ध केल्या. ह्या महोत्सवा वेळार 2 हजार दीव्यांग व्यक्तींक तांका लागपी यंत्रणाचे वाटप करतले. ह्या महोत्सवाखातीर 14 कोटी रूपया खर्च जावपाचो अदमास तांणी ह्यावेळार दीला. महोत्सवात 21 तऱ्हेच्या disablity चेर तज्ञ मनशांच्यो 25 परीशदो जातल्यो. हांतुत दीव्यांग व्यक्तीच्या सक्षमीकरणाखातीर धोरण आखपाचो मसुदो तयार जातलो अशी म्हायती आयोजकानी दील्या.

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयाच्या जोड सहकार्यान शिक्षण मंत्रालय आयज तंबाखू मुक्त तरणाटे मोहीम 3.0 सुरू करतले. तंबाखू मुक्त पिळगेची सरकाराची मोख साकार करपा खातीर ही राष्ट्रीय मोहीम म्हत्वाचें पावल थारतली अशें शिक्षण मंत्रालयान सांगलें. 60 दिसांची ही राष्ट्रीय मोहीम भुरग्यांक आनी तरणाट्यांक तंबाखू वापर आडावंक शिक्षण दिवपाक आनी सशक्त करपाखातीर यत्न करता, तंबाखू सोडपाक सोदपी लोकांक मजत दिवपाक आनी शाळांनी आनी उच्च शिक्षण संस्थांनी भलायकी आनी निरोगीपणाची घटमूट संस्कृताय वाडोवपाक मजत करतली.

म्हजें घर येवजणे खाला कोमुनिदाद, सरकारी आनी खासगी जमनींतलीं अनधिकृत घरां अधिकृत करपाचे अर्ज सोमारच्यान संबंदीत कार्यालयांत उपलब्ध आसतले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी बसके उपरांत ही म्हायती दिली. म्हजें घर येवजणेचे कार्यवाही खातीर मुखेलमंत्री सावंत हांच्या मार्गदर्शना खाला मंत्रालयांत बसका जाली. म्हजें घर येवजणे खाला इकरा विवीध तरेचे अर्ज आसत. तरीय येवजणेचे मुखेल जे 5 अर्ज आसात, ते सोमार सावन उपलब्ध करतले.

शेती चड फायदेशीर आनी टिकावू करपा खातीर शेतकी, पर्यटन आनी अन्न प्रक्रिया हांका चड उर्बा दितनाच नवनिर्माण, तरणाट्यांचो सहभाग आनी तंत्रज्ञानान चलपी वाड हांचेर भर दिवपाक जाय अशे मत उद्देग मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी उक्तायला. ते ASSOCHAM, भारत सरकार, गोंय सरकार तशेंच गोंय उद्देग म्हामंडळ आनी नाबार्ड हांच्य जोडपालवान काल agriculture conclave 2025आत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. Byte

आत्मनिर्भर भारत आनी स्वदेशी वस्तुचो उपेग करपाचो नारो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारला. हे फांटभुयेंर देशांत आत्मनिर्भर भारत संकल्प अभियान चालीक लायला. गोंयांतुय आत्मनिर्भर भारत आनी स्वदेशीच्या उपेगा विंशी, तशेचं वोकल फोर लोकल जागृताय करपाक हो संकल्प प्रत्यक्ष चालीक लावपाच्य हेतान भाजपाचे कार्यकर्ते लोकांमदी जागृताय करतले अशी म्हायती भाजपाचे फुडारी नरेंद्र सावयकार हांणी दिल्या. Byte

पणजी हवामान खात्यान दिल्ल्या म्हायती प्रमाण आयज उण्यांत उणे तापमान 24 डिग्री सेल्सियस जाल्यार चडांत चड तापमान 31 डिग्री सेल्सियस आसतले.

पादुकोण स्कूल ऑफ बॅडमिंटन हांणी गोवा बॅडमिंटन असोसिएशन कडेन खेळगड्यांक प्रशिक्षण दिवपा खातीर आनी राज्यांत प्रशिक्षणाची उदरगतय कबलातीचेर सयो केल्यो. पादुकोण स्कूल ऑफ बॅडमिंटनचे प्रकाश पादुकोण आनी गोवा बॅडमिंटन असोसिएशनाचे मनोज पाटील हांणी आयज मीरामार समजिकाय कबलातीचेर सयो केल्या.

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.